# माहिती हक्क दीस कार्यावळीचें आयोजन

ता. 10 ऑक्टोबर 2024

देशांत दर वर्सा 12 ऑक्टोबराक "माहिती हक्क दीस" मनोवपात येता. ह्या दिसा देशांत "माहिती हक्क कायदो 2005" अमलात आयलो. म्हायती आनी प्रसिध्दी संचालनालयान गोंय राज्य माहिती आयोगाच्या सहकार्यान ता. 11 ऑक्टोबर 2024 दिसा सकाळी 10. 30 वरांचेर पणजे मिनेझिस ब्रागांझा संस्थेच्या सभाघरांत माहिती हक्क दीस कार्यावळीचें आयोजन केला.

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांचे हस्तुकीं कार्यावळीचें उक्तावण जातले. मुखेल म्हायती आयुक्त श्री. अरविंद कुमार एच. नायर, राज्य म्हायती आयुक्त श्री. आत्माराम आर. बर्वे आनी हेर मानेस्त कार्यावळीक उपस्थित रावतले.

ह्या वेळार एडव्होकेट जनरल "माहिती हक्क कायद्याच्या अंमलबजावणीत पयल्या अपेलेट अधिकारीणीची भुमिका" ह्या विशयाचेर व्याख्यान दितले.

सरकारी खातीं, महामंडळां आनी स्वायत्त संस्थांच्या सगल्या पयल्या अपेलेट अधिकाऱ्यांनी कार्यावळीक हजर रावचे. सकाळी 10.00 वरांचेर रजिस्ट्रेशन सुरू जातले.

म्हा /सप/ / विगां/ 2024/557

--

---


Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.